Panaji regional news

01.06.2025,, 7.20pm

## प्रधानमंत्री

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयतारा नवी दिल्लींत आशियाई विकास बँकेचो अध्यक्ष मासातो कांडा हांचे कडेन बसका घेतली. फाटल्या दशकांत भारतांत जाल्ल्या नेटान जावपी परिवर्तनाक लागून अगणित लोकांक सशक्त जाल्या आनी ह्या प्रवासांत आनीक गती जोडपा खातीर आमी वावुरतात अशें प्रधानमंत्री हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगलें. बसके वेळार दोनूय वटांनी विंगड विंगड विशयांचेर नदर मांडली. श्री कांडान सांगलें की एडीबी फुडल्या पांच वर्सांत तिसऱ्या पक्षाच्या भांडवल सयत 10 अब्ज डॉलर पालिका मुळाव्या साधनसुविधा उदरगतींत, मेट्रो नेटवर्क वाडोवपाक, नवे प्रादेशिक रॅपिड ट्रांझिट प्रणाली मार्ग बांदपाक आनी शार सेवांचें आधुनिकीकरण करपाक दितले.ही म्हायती सोशल मिडियाचेर शेअर करतना श्री कांडा हांणी सांगलें, विक्षित भारत 2047 ची नदर धाडसी आसा, आनी एडीबी त्या महत्वाकांक्षेक तेंको दिता. भारत एडीबीचो एक स्थिर भागीदार आसा हें लक्षांत घेवन भौशीक आनी खाजगी क्षेत्रांतल्या अर्थीक मळार वाड करून, गिन्यानाचो सहकार्य खोलायेन करून, आनी भांडवल एकठांय करून एडीबी 2047 मेरेन भारताच्या विकसीत राष्ट्र जावपाच्या

यत्नांक आदार दिवपाक तयार आसा अशें तांणी भर दिलो.तांनी जोडलें की तो आपल्या 1.4 अब्ज लोकां खातीर समावेशक, लवचीक आनी टिकावू वाड दिवपाक तयार आसा.

## सर्व पक्षीय शिश्ठमंडळ

ओपरेशन सिंदूर खाला भारत सातत्यान करीत आशिल्ल्या यंत्नांचो एक वांटो म्हूण तशेंच आतंकवादा आडच्या भारताच्या तत्वनिश्ठ आनी खर भुमिकेवरवीं संसद वांगड्यांचो आस्पाव आशिल्ल्या सर्व पक्षीय शिश्ठमंडळ वेगवेगळया देशांनीं आपली मोहीम राबयत आसा.संबंधीत शिश्ठमंडळ सगळे तरेच्या दहशतवादाक खंयचेच रितीन सहनशिलताय दाखोवची न्हय असो कडक संदेश दीयत आसात.शशी थरूर हांच्या मुखेलपणा खालचें

शिश्ठमंडळ आयज ब्राझीलांत पावलां.विमानतळाचेर चार्ज डी अफेअर्स संदीप कुमार कुजूर हाणी शिश्ठमंडळाक येवकार दिलो.हे भेटेंत शिश्ठमंडळ ब्राझिलाच्या वडील फुडार्यांची आनी संसद वांगड्यांची बसका घेवन तांचेकडेन संवाद सादतले.

## पियुश गोयल

केंद्रीय वाणिज्य आनी उध्येगमंत्री पियुश गोयल आयजसावन फ्रांसाच्या तीन दिसांचे अधिकृत भेटेर गेल्यात.ही भेट भारताच्या मुखेल येरोपीय भागीदारांवागडा धोरणात्मक आनी अर्थीक संबंद घटमूट करपाखातीर तशेंच लवचीक आनी समावेशक जागतीक उदरगतिचो दृश्टिकोण मुखार व्हरपाखातीरच्या वचनबध्दतायेचें पडबींब आसा.फ्रांसाचे भेटेवेळार मंत्री गोयल हे अर्थ मंत्री एरिक लोंमबार्ड आनी फ्रेंच वेपार मंत्री लोरेंट सेंट मार्टिन हांचेसयत फ्रेंच मंत्र्यां वांगडा द्विपक्षीय बसका घेतले.भारत फ्रांस मजगतच्यी अर्थीक भागीदारी घटमूट करपा हेतान, तेंच प्रमाण वेपारी आनी गुंतवणूकींतलें सहकार्य वाडीक लावपाक नवे मार्ग सोदपाचो हेत बाळगून बसकांनी भासाभास जातली.

## पत्रकार संघाचा वर्धापन

गोवा मराठी पत्रकार संघाचा वर्धापन दिवस आज पणजी येथील कला अकादमीच्या ब्लैक बॉक्स मध्ये साजरा करण्यात आला.यावेळी प्रमुख पाहुणे म्हणून आमदार केदार नाईक, पत्रकार सम्राट फडणीस,पत्रकार संघाचे अध्यक्ष वामन प्रभू उपस्थित होते.

यावेळी राज्यात विविध ठिकाणी पत्रकार म्हणून कार्यरत असताना आपल्या कामाची छाप सोडलेल्या महादेव गवंडी, देवीदास गावकर,महेश गावकर,विलास महाडिक, वाळवे यांच्या उपस्थित मान्यवरांचा पुरस्कार देऊन सन्मान करण्यात आला.पत्रकार संघाच्या स्मरणीकेचे यावेळी प्रकाशन करण्यात आले.यावेळी फडणीस आणि केदार नाईक यांची भाषणे झाली.कार्यक्रमाला मराठी पत्रकार संघाचे सदस्य आणि हितचिंतक मोठ्या संख्येने उपस्थित होते.

## म्हाविद्यालय प्रवेस

उच्च शिक्षण संचालनालयान शिक्षणीक वर्स 2025-26 खातीर म्हाविद्यालयाच्या पयल्या वर्सा खातीर ऑनलायन प्रवेशाची दुसरी आनी निमाणी फेरी जाहीर केल्या. 1 जून ते 8 जून

2025 मेरेन अर्ज करपाक मेळटा. ज्या विद्यार्थ्यांक अजून प्रवेश मेळूंक ना तांणी बी.ए., बी.एससी., बी.कॉम., बीबीए., बीसीए. सयत वेगवेगळ्या पदवी कार्यावळीं सयत बी.एड., बॅचलर ऑफ परफॉर्मिंग आर्ट्स, बॅचलर ऑफ म्युझिक हे खातीरय गोंयच्या उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या समर्थ संकेतथळा वरवीं अर्ज करचो, अशे कळीत केला. हातूंत सुमार 1300 सुवाती आसात. ऑनलायन अर्ज करपाची प्रक्रिया फुकट आसा, अशे शिक्षण संचालनालयान कळीत केला.

पुरस्कार'

39व्या गोंय राज्यत्व दिसा निमतान मुख्यमंत्री डॉ. 'ज्ञानपीठ पुरस्कृत रविंद्र केळेकार कोंकणी भाषा पुरस्कार' श्री. 2022-2023 खातीर मणिकाराव रामनायक गौनेकर, श्री. 2023-2024 खातीर सुरेश रामचंद्र पाई, आनी श्री. 2024-2025 खातीर भिकू बोमी नायक. तशेंच 'बी. डी.सातोस्कर मराठी भाषा पुरस्कार' श्री. 2022-2023 खातीर शंभू भाऊ बांडेकर, श्री. 2023-2024 खातीर अनिल गजानन सामंत, आनी श्री. रमेश डी.ओनस्कर 2024-2025 खातीर. गोंयांतल्या कोंकणी आनी मराठी भासांच्या प्रचाराक आनी समृध्दी खातीर पुरस्कार विजेत्यांनी केल्ल्या मोलादीक योगदानाक मानून हे पुरस्कार दिल्ले

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज आसाम,मेघालया,नागालेंड,मणीपूर मिझोराम आनी त्रिपुराच्या कांय वाठारांनी उटंगाराचो पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या.भारतीय हवामान खात्यान दिल्ल्या म्हायती प्रमाण दिल्ली सयत हिमाचल प्रदेश,उत्तराखंड,पंजाब,हरीयाणा,आनी चंदिगडांत ४जूनमेरेन वादळ आनी वार्यासयत मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा.तेचपरीं विदर्भ छत्तीस गड,ओदिशा,मध्य प्रदेश,बिहार,अस्तंत बंगालांत वादळासयत जोगलां, आनी गडगड मारून पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.केरळ,माहे,कर्नाटक,आनी आंध्र प्रदेशांतय गडगड

जोगलां मारून वादळासयत पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.मात सौराष्ट्रांत आनी कच्छांत नेटाचें वारें व्हावंक शकता अशी शिटकावणी हवामान खात्यान दिल्या.

## निबंद सर्त

आयज सावन सुरु जाल्ल्या देसाच्या ७८ व्या स्वतंत्रतायेच्या दिसानिमतान केंद्र सरकारान तरणाट्यां खातीर साबार सर्तींचें आयोजन केलां.पयली सर्त द्विभाशीक निबंद सर्त घोशीत केल्या.हे निबंद सर्तिचो विशय आसा "ओपरेशन सिंदूर -दहशतवादाआड भारताचें धोरण परतून परीभाशीत करप."सर्तींतल्या पयल्या तीन जैतिवंतांक दरेकी १० हजार रुपयांचीं इनामां मेळटली.तेचपरी,नवी दिल्लींत लाल किल्ल्याचेर जावपी ७८ व्या स्वतंत्रतायेच्या दिसाच्या सुवाळ्यांत वांटेकार जावपाची संद मेळटली.सर्तींत वांटो घेवंक इत्सूक आशिल्ल्यानी माय गोव संकेतथळाकभेट दिंवची अशें कळीत केलां.सर्तीखातीर निबंद ३० जूनमेरेन धाडूंक येता.सरकारान सगळ्या नवोदीत सोशल मिडिया प्रभाविता खातीर आपलें भोवंडेचो व्हिडियो आनी रील तयार करपाक आवाहन केलां.इत्सुकांनी भारतीय स्वतंत्रतायेचीं खंयचीय स्मारकां आनी स्थळांचेर केल्ले भोंवडे संबंदान व्हिडियो आनी रील केल्लें आसूंक जाय.

## यल पी जी सिलींडराचें मोल

आयजसावन वेवसायीक यल पी जी सिलींडराचें मोल २४ रुपयानी उणे केलां.तेल कंपन्यानी आयजसावन १९ किलोग्रामाच्या वेवसायीक यल पी जी सिलींडराच्या मोलांत २४ रुपया उणे केल्यात.ह्या सिलींडराचें सुदारीत किरकोळ मोल आतां दिल्लींत १७२३रुपया ५० पयशे जालां.घरगुती सिलिंडरांचें मोल मात आदले वरींच उरतलें.ह्या वरसाचे सुरवेक एप्रीलांत घरगुती यल पी जी सिलिंडराच्या मोलांत ४१ रुपया उणे केल्ले.

## विदेश वेव्हार मंत्री

विदेश वेव्हार मंत्री डा.यस.जयशंकर हाणी आयज नवीं दिल्लींत इरिट्रिया चे समपदस्त उस्मान सालेह हांची भेट घेतली.पहेलगामांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याचो सालेह हाणी खर निशेध केल्ल्यान मंत्री जयशंकर हाणी तांचे समपदस्त सालेह हांची तोखणाय केली.भेटेवेळार दोगय मंत्र्यांनी दोनय देशां मजगतच्या द्विपक्षीय सहकार्याविशीं खास करुन भलायकी आनी शिक्षण वाडोवपाचेर भासाभास केली.खेरीज तांचेमदीं प्रादेशीक उदरगती संबंदी विचारांचेंय देणें घेणे जालें.

**आयज पी यल क्रिकेट**

आयज पी यल क्रिकेट खेळांत सर्तींत आयज दुसर्या क्वालीफायर फेरयेंत मुंबय इंडियन्स आनी पंजाब किंग्स पंगडामदी खेळ जातलो.हो खेळ अहमदबादेंतल्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर सांजेच्या साडे सांत वरांचेर खेळयतले .आयच्या खेळांतलो जैतीवंत पंगड मंगळारा अहमदाबादेंत खेळयतल्या फायनलीच्या खेळांत बेंगळुरुच्या रोयल चेलेंजर्स पंगडाआड खेळटलो.